<u>राष्ट्रीय  खबरो</u>

<u>आकाशवाणी पणजीच्या</u>

<u>प्रादेशिक खबरा</u>

Date : 16/09/2026 6.30 PM

<u>प्रधानमंत्री</u>

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां नवी दिल्लींतल्या यशोभूमिंत 'सेमीकॉन इंडिया' च्या पांचव्या आवृत्तीचें उक्तावण करतले. सेमीकंडक्टर आनी इलॅक्ट्रॉनिक्स मळार  नवोन्मेष, उत्पादन क्षमता, गुंतवणूक आनी तंत्रीक सहकार्याक चालना दिवपाचो हे परिशदेचो हेत आसा.तीन दिसांच्या ह्या परिशदेंत 50 वयर देशांतले प्रतिनिधी, 300 आंतरराष्ट्रीय कंपनीं आनी 600 वयर प्रदर्शक वांटो घेतले.

<u>EPFO</u>

केंद्रीय मंत्रिमंडळाने कर्मचारी भविष्य निर्वाह निधी संघटना म्हळ्यार  EPFO च्या सक्तीच्या कवरेजाखातीर मासिक वेतन मर्यादा १५ हजार रुपयां वयल्यान २५ हजार रुपया केल्या अशें म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगले .  Bytes  २४

<u>अर्थमंत्री</u>

कर संबंदीत प्रस्तावांत राश्ट्रीय हिताक सगळ्यांत चड प्राधान्य दिवपाचो उलो केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी मारलो. बेंगळुरूंत जाल्ले 'न्यू एज टॅक्सेशन परिशदेचें उक्तावण करतना कर दर उणो करप, सवलती वा सुट दिवपाची मागणी करचे पयलीं राश्ट्रीय हिताचो विचार करपाचेर ताणी  भर दिलो. अर्थमंत्र्यांनी शिक्षणतज्ज्ञ, संशोधक आणि थिंक टॅंक संस्थांनी कर धोरणाचेर  स्वतंत्र संशोधनाक प्रोत्साहन दिवचें  तसेच संशोधनाच्या निष्कर्षांचेर भौशीक  चर्चा करची अशे  आवाहन केले.विकसीत भारत-2047 चें ध्येय मतींत दवरून फुडराच्या कर वेवस्थेचेर विचारमंथन करपाची गरज ताणी उक्तायली

<u>नीती आयोग</u>

नीती आयोगाच्या इंडिया इलेक्ट्रीक मोबिलिटी इंडेक्स 2025 प्रमाण इलेक्ट्रीक मोबिलिटी आपणावपाच्या मळार दिल्ली सगळ्यांत बरी कामगिरी करपी केंद्रशासित प्रदेश थारला. ताचे उपरांत महाराष्ट्र, कर्नाटक, चंडीगढ आनी गोंय हान्चो आस्पाव  आसा. आयज नवी

दिल्लींत नीती आयोगान हो निर्देशांक जाहीर केला . ई-मोबिलिटी खातीर उप-राष्ट्रीय पांवड्यावेल्या धोरण चौकटीचें आनी ताचे अंमलबजावणीच्या परिणामाचें दोनूय मुल्यांकन ह्या निर्देशांकांत केलां.2047 मेरेन विकसीत भारताचें ध्येय साध्य करपा खातीर इलेक्ट्रीक मोबिलिटीचेर वचप ही अर्थीक, पर्यावरणीय आनी धोरणात्मक गरज आसा अशे नीती आयोगाचे वांगडी राजीव गौबा हांणी सांगलें.

<u>ओझोन दीस</u>

पर्यावरण राज्यमंत्री कीर्ति वर्धन सिंग हांणी टिकावू अर्थीक उदरगती वांगडाच पर्यावरण संरक्षण शक्य आसा अशे म्हणला. संवसारीक ओझोन दीस मनोवपा खातीर मुंबयंत आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत तांणी पर्यावरणीय आव्हानां पयस करपा खातीर सरकार, शास्त्रज्ञ, उद्देग आनी नागरिकांच्या सहकार्याचेर भर दिलो.

<u>जल शक्ति मंत्री</u>

केंद्रीय जल शक्ति मंत्री सी.आर.पाटील हांणी ग्रामीण नितळसाण सेवांचें मुल्यांकन करपाखातीर'स्वच्छ सेवा आंकलन' वर्सुकी डिजिटल स्वयं-मुल्यांकन चौकटी सुरू केलें. ह्या उपक्रमाक लागून ग्रामपंचायतींक आनी ग्रामसभांक नितळसाण सेवा सुदारपाक मजत जातली.

<u>पीएम विश्वकर्मा</u>

पीएम विश्वकर्मा येवजणेक फाल्यां तीन वर्सां पुराय जाता. ह्या येवजणेखाला ३० लाख लाभार्थ्यांच्या नोंदणीचो पावन्डो हुपला. पारंपारीक कारागिरांक आनी कारागिरांक आधुनीक साधनां, अर्थीक पालव, कुशळटाय विकास आनी बाजारांत जोडणी दिवप हो येवजणेचो हेत आसा. फाल्यां कोलकातात हे येवजणेचो  तिसरो वर्धापन दीस मनयतले, आनी हे निमतान केंद्रीय एमएसएमई मंत्री जीतन राम मांझी हाजीर आसतले.

<u>यूपीआय</u>

व्यक्ती-व्यक्ती (पी 2 पी) यूपीआय व्यवहारांचेर कसलेंच शुल्क घेवचे नात अशें सरकारान स्पश्ट केलां. तशेंच वेपारी आनी ल्हान वेपाऱ्यां खातीर 2 हजार रुपया मेरेनच्या वेव्हाराचेर कसलेंच शुल्क आसचे ना हाचो परिणाम सुमार 96 टक्के पी टू एम वेव्हाराचेर जावचो ना.

तशेंच एमडीआर फकत 2 हजार रुपया परस चड कांय वेपारी वेव्हाराकूच  लागू जातलो अशें मंत्रालयान स्पश्ट केलां

<u>खेळ</u>

भारत आनी अफगाणिस्तान पंगडामदीं तीन टी-20 खेळामांळेतलो दुसरो खेळ आज नवी दिल्लीतल्या अरुण जेटली मैदानार जातलो. हो खेळ  सांजवेळा 7 वरांचेर सुरू जातलो

<u>हवामान</u>

भारतीय हवामान खात्यान आयज अंडमान आनी निकोबार जुंवे, अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, हरियाणा, पंजाब आनी चंडीगढात चड पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. मजगतीं गोयान  हलको ते मध्यम पावस पडपाचो अदमास खात्यान उक्तायला.

इतल्यान हयो राष्ट्रीय खबरो सोपल्या आमचे फुडले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण ४० मिंनटाचेर